# उत्कृश्ट पी. ई. शिक्षकांखातीर पुरस्कार

ता. 21 फेब्रूवारी 2018
2 फाल्गून 1939

खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालयावतीन ता. 23 फेब्रूवारी 2018 दिसा सकाळी 10.30 वरांचेर सेमिनार हॉल, तळमजलो, सचिवालय, पर्वरी हांगा आयोजीत करपात येवपी कार्यक्रमात उत्कृश्ट शारीरिक शिक्षण शिक्षकांखातीर राज्य पुरस्कार भेटयतले. खेळ आनी युवा वेव्हार मंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर , खेळ आनी युवा वेव्हार सचिव श्री. बी. आर. सिंग आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक हजर आसतले.

माध्यमिक शिक्षण विभागात प्रियोळ-फोंडेच्या शिक्षा सदन माध्यमिक शाळेचे शारीरिक शिक्षण शिक्षक श्री. हनुमंत तुळशीदास नाईक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण विभागात म्हापशेंच्या सेंट झेवियर उच्च माध्यमिक विद्यालयाचे शारीरिक शिक्षण शिक्षक श्री. न्युटन आर्थूर आझावेदो हांका पुरस्कार भेटयतले.